**संवसारीक पर्यटन दीस मनयलो**

ता. 27 सप्टेंबर 2023

पर्यटन खात्यान ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशन ऑफ गोवा आनी SKAL गोवा हांच्या सहकार्यान आयज दोनापावला हांगाच्या ताज सिदा दे गोवा हॉटेलात आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात संवसारीक पर्यटन दीस मनयलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे, पर्यटन सचीव श्री. संजय गोयल, पर्यटन संचालक श्री. सुनील अंचिपाका, ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशन ऑफ गोवाचे अध्यक्ष श्री. निलेश शहा, SKAL इंटरनॅशनलचे अध्यक्ष श्री. विवेक केरकर आनी पर्यटन क्षेत्रांतले अनेक मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

"पर्यटन आनी हरित गुंतवणूक" अशी ह्या वर्साच्या संवसारीक पर्यटन दिसाची संकल्पना आसा.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पर्यटन क्षेत्राच्या विकासाखातीर भौशीक आनी खासगी क्षेत्रांतल्या उद्देगांच्या भागीदारीची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें. गोंय सरकारान राज्यांत पर्यटनाक उर्बा दिवपा खातीर दर्यावेळांचेर नितळसाण राखपाखातीर 30 कोटीं रूपया खर्चाची तजवीज केल्ल्याचे तांणी सांगलें. तशेंच महामार्ग सुधारणा आनी शारांतल्या नितळसाणीचेरय भर दिल्ल्याचें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान वार्का दर्यावेळेर येणाऱ्या काळांत बीच व्हॉलीबॉल सर्त आयोजीत करपाची घोशणा केली, जातूंत 31 देशांचो सहभाग आसतलो. अशां सर्तींक सागून राज्यांतल्या पर्यटनात वाड जावपाक मदत जातली, अशें तांणी सांगलें. डॉ. सावंत हांणी फुडल्या चार ते पाच वर्सांत हॉस्पिटॅलिटी क्षेत्रात सुमार 2 लाख तरणाट्यांक रोजगाराची संद निर्माण करपाचेर भर आसतलो अशें सांगून "वोकल फॉर लोकल" - "व्होकल फॉर ग्लोबल" संकल्पनेक उद्देगांनी सहकार्य करपाची गरज व्यक्त केली.

पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी सरकारान बीच पर्यटनावांगडाच हॅरीटेज आनी ग्रामीण पर्यटन विकासाचेर भर दिल्ल्याचे सांगून पर्यटन क्षेत्रांतल्या वेवसायात कायदेशीरपणा, नेमांचे पालन आनी सुरक्षा उपायांक म्हत्व दिवपाची गरज व्यक्त केली.

श्री नीलेश शाह हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री विवेक केरकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

श्रीमती आयशा हांणी सूत्रसंचालन केले,

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/756

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan,
Third Floor, Near Azad Maidan, Panaji – Goa.